Panaji Regional News

29 May 2026,7.20pm

## उपराष्ट्रपती

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आयज गोव्यात दाखल जाल्यात .फळया ३० मे रोजी, उपराष्ट्रपती पणजेंत गोयच्या घटक दिसाच्या सुवाल्यात वाटेकर जातले . त्या उपरांत ते गोवा सी एस आय आर- राष्ट्रीय समुद्रशास्त्र संस्थएक भेट दितले..

## राज्यपाल

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गोंय घटक राज्य दिसानिमतान गोंयच्या लोकांक परबीं दिल्या. घटक राज्य दीस आमकां लोकशाय प्रवासाचो उगडास करून दिता, जातूंतल्यान गोंयान 1987 वर्सा भारतीय संघराज्याचे 25 वे राज्य म्हूण आपली हक्काची सुवात मेळयली. घटक राज्य दीस हो पिळग्यांन-पिळग्यांची दुरदीश्टी, निर्धार आनी त्यागाचो अभिमान आसा, जांणी उदरगत आनी आधुनीकतेचो स्विकार करतना गोंयचो खाशेलो सांस्कृतीक आत्मो सांबाळून दवरलो. प्रत्येक पिळगेन गोंय लागीच्यान पळयला, पुण फुडाराचे गोंय घडोवप ही तांची जापसालदारकी आसा. ते खातीर आमी एकजूट, शिस्त, आपलेपण आनी दुरदीश्टी सयत एकवटान वावर करूया- जेणे करून येणारी दशकां आमच्या राज्याच्या इतिहासातलो भांगराळो अध्याय आसतलो.शांतीकाय, विस्वासाच्या बळार गोंयची सतत प्रगती आनी भरभराट जांव आनी आपल्या देखीतल्यान राष्ट्राक प्रेरणा दिवपाचे कार्य घडोवन येव.

## मुख्यमंत्री परबीं

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी 40व्या गोंय घटक राज्य दिसा निमतान गोंयच्या लोकांक परबीं भेटयल्या. घटक राज्य दर्जो हो स्वातंत्र्य सैनिक आनी लोकांचे परिश्रम, दुरदीश्टी, आनी त्यागाचे फळ जावन आसा.आयज भारत देश प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या दुरश्टीच्या फुडारपणा खाला विकसीत भारत 2047 च्या उद्दीश्टाच्या दिकेन नेटान वाटचाल करता आनी हे उद्दीश्ट पुर्ण करपाक आपले योगदान दिवपा खातीर गोंय सरकारान सुशासन, शाश्वत विकास, इनोव्हेशन, महिला सशक्तीकरण, राज्याच्या उदरगतीत तरणाट्यांचो सहभाग आनी लोककेंद्रीत कल्याणकारी उपक्रम आनी येवजण्यांचेर भर दिल्लो आसा. आयज गोंय राज्यान आपली समृध्द परंपरा, जातीय सलोखो आनी सांस्कृतीक विविधताय सांबाळून शिक्षण, भलायकी, पर्यटन, साधनसुविधां, शेती, तंत्रज्ञान अशां अनेक मळार तोखणायेची उदरगत केल्ली आसा.

## पर्यावरण दिसा cm

संवसारीक पर्यावरण दिसा म्हणल्यार 5 जून दिसा गोंय ग्रीन कॉरिडोर उपक्रमांतल्यान राज्याच्या राष्ट्रीय आनी राज्य म्हामार्गांचेर 90 दिसांची ही मोहीम सुरू करतले. 5 सप्टेंबर मेरेन चलपी हे कार्यावळीचो हेत गोंय पाचवो करपाचो आनी रस्त्या कुशीक झाडां लावन रस्त्यांक सोबीत करपाचो हेतू आसा. ह्या काळांत सुमार धा लाख झाडां लावपाची शक्यताय आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

## मुखेलमंत्री

गोंय हें घडये एकमेव राज्य आसुये , ज्या जाग्यार ग्रामीण वाठारांत लेगीत खेळा खातीर समाधानकारक सुविधा उपलब्ध आसात, अशें गोंय राज्याचे मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. ते आयज प्रियोळ मतदार संघातल्या सावयवेरें-वाघुर्मे ग्रामपंचायत वाठारांत बहुद्देशीय इनडोअर क्रीडा संकुलाचें उक्तावण करतकच उलयताले.या गावांतल्या विद्यार्थ्यांनी खेळा मळार राष्ट्रीय स्तराचेर आपलें नांव कमवचें अशें तांणी सांगलें. ग्रामपंचायत, शाळा तशेंच गावांतल्या खेळा संस्थांनी एकठांय येवन या क्रीडा संकुलाचो बऱ्यांत बरो वापर करचो, अशेंय मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांणी मागलें.या वेळार प्रियोळ मतदार संघाचे आमदार गोविंद गावडे, वेरें-वाघुर्मे ग्रामपंचायतीच्यो सरपंच शोभा पेरणी, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. या मजगतीं प्रियोळ मतदार संघाचे आमदार गोविंद गावडे हांचेंय उलोवप जालें."

## म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत

सरकारी, खाजगी आनी कोमुनिदादचे जमनींतलीं घरां नांवाचेर करपी 'म्हजें घर येवजणे' खाला आनीक ३ हजार अर्ज निकालांत काडल्यात. उत्तर आनी दक्षीण गोंयांत खाशेली कार्यावळ आयोजीत करून ३ हजार घरांच्या सनदींचें वाटप करतले, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. केंद्र आनी राज्य सरकाराच्यो येवजण्यो सगळया मेरेन पावोवपा वांगडा एनडीए सरकाराक १२ वर्सां पुराय जाल्ले खातीर दरेका मतदारसंघांत कार्यावळी आयोजीत करतले.भाजप, मगो आनी सरकाराक फाटबळ दिवपी अपक्ष आमदारांची आयज पणजे बसका जाली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक, केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले. बसके उपरांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी बसकेंतल्या निर्णयांची म्हायती दिली.हरीत कॉरीडॉर उपक्रमा खाला राष्ट्रीय आनी राज्य महामार्गा खाला १० लाख झाडांचे रोपे लायतले. ५ जून ते ५ सप्टेंबर मेेरेन हो उपक्रम जातलो. केंद्रांतल्या एनडीए सरकाराक १२ वर्सां पुराय जाल्यांत. ह्या निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां बसकेंत परबीं भेटयलीं. ह्या निमतान दरेका मतदारसंघांत विवीध कार्यावळींचें आयोजन जातले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सप्टेंबर वा ऑक्टोबरांत गोंयां भेट दितले. ह्या वेळार विवीध प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. प्रधानमंत्री रोजगार येवजणे खाला आतां मेरेन १५०० तरणाट्यांक प्रशिक्षण दिलां. आनी १५ हजार तरणाट्यांक प्रशिक्षण दितले, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

## साखळीच्या रवींद्र

साखळीच्या रवींद्र  रवींद्र भवनात फाल्या 30 मे 2026 या दीसा साखळी शॉर्ट फिल्म महोत्सवाचे आयोजन केला.या महोत्सवा विषयी माहिती दितना साखळी रवींद्र भवनचे उपाध्यक्ष विशांत चिमूलकर हाणीं सांगले की  30 मे दिसा सकाळी 10 वरांचेर  उक्तावण सुवाळो जातलो . सांजवेळा स वरांचेर इनाम वाटप सुवाळयाचे आयोजन केला. या शॉर्ट फिल्म महोत्सवात वट्ट तेरा शॉर्ट फिल्म्स दाखयतले.रसिकांनी व्हडा संकेन या महोत्सवाक हजर रावचे अशें आवाहन साखळी रवींद्र भवनान केलां.

## वीर सावरकर युवा मंच

वीर सावरकर युवा मंच दिवचल आनी भारत सरकारच्या युवा व्यवहार खात्याकडे संलग्न आशिल्या मेरा युवा भारत हे संस्थेच्या वतीन विनायक दामोदर सावरकर जयंतीच्या निमित्तान दिवचल शारांत एक खास कार्यावळ आयोजित केल्ली. दिवचल हांगसर शांताराम नगर बोर्डे  हांगसर सभागृहात  ही कार्यावळ जाली .हे कार्यावळीक मुखेल वक्ते म्हणून भारत माता की जय संघटनेचे जाळवणदार आत्माराम गावकर हजर आसले.  इतले मजगतीं विनायक दामोदर सावरकर जयंतीच्या निमत्तान

साखळीच्या रवींद्र भवनात काल एक गीत सावरकर ही खास कार्यावळ जाली.हातुत तेजस वेर्णेकर आनी स्नेहल गुरव हाणीं भाग घेतलो.

हवामानां

हवामानांतल्या वेगवेगळ्या बदलांक लागून 29 मे सावन 30 मे मजगतीं राज्यांत जोगलां आनी गडगड मारून पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या..काल गोंयांत किरकोळ पावसाची नोंद जाल्या. आयज हवामान खात्यान तापमान नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान 34.6 आनी उण्यांत उणे 28 .5अंश सेल्सिअस जाल्यार मुरगांवांत चडांत चड 34 .4 आनी उण्यांत उणे.28.6अंश सेल्सिअस तापमानाची नोंद जाल्या. फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड 34ते35 जाल्यार उण्यांत उणे 27ते 28 अंश सेल्सिअस तापमान उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. 1 मार्च ते 28 मे मेरेन राज्यांत सरासरीन 74.8 मिमी पावस पडिल्ल्याची नोंद जाल्या.

आकाशवाणी पणजी  केंद्राच्या प्रादेशीक खबरां  विभागावरवीं वृत्तनिवेदकाच्या पदाखातीर तात्पुरत्या कराराचेर  पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्लात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेंचे आसा.पिराय 21 ते 50वर्सां मजगती आसची. ताका कोंकणी भाशेचें गिन्यान आसपाक जाय.अर्ज करपाक निमणी तारीक  1 जून 2026 आसा. चढ म्हयती खातीर ७०२०६७२७१० ह्या क्रमांकाच्येर संपर्क करचो.